Date :11/04/2026 खबरो 8.40pm

# मुखेल खबरो

देश आयज व्हड समाज सुदारक महात्मा ज्योतिबा फुले हांकां ताच्या जयंती निमतन आर्गां ओपता.

फाटल्या कांय सप्तकां सावन अस्तंत आशियाई वाठारांत चलत आयिल्लो संघर्श सोंपपा खातीर आयज इस्लामाबादांत अमेरिके आनी इराण हांचे मदीं थेट उलोवणी जातली.

आशियाई डेव्हलपमेंट बँकेन चालू वित्तीय वर्सा भारताच्या अर्थीक वाडीचो अदमास 6.5 टक्क्यांवयल्यान 6.9 टक्के केला.

नासाच्या आर्टेमिस दुसरो चंद्रमोहिमेतले चारय अंतरिक्षयात्री आयज धर्तरेचेर परतले.
भारतीय अंतराळ संशोधन संघटनेन (इस्रो) आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटात गगनयन मोहिमेखातीर आपली दुसरी यशस्वी एकात्मिक एअरबर्स्ट चांचणी केली
आयपीएलां क्रिकेट सर्तीत काल राजस्थान रॉयल्स पांगडान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पांगडाक स विकेटींनी हारोवन सलग चवथे खेपे जैत मेळयलें. आता पुराय खबरो

व्हड समाज सुदारक महात्मा ज्योतिबा फुले हांकां आयज ताच्या जयंती निमतन  देशांत आर्गा ओपताता. महात्मा फुले हाणें आपली बायल सावित्री फुलेवांगडा बायलांचें शिक्षण आनी सशक्तीकरणखातीर म्हत्वाचो वावर केलो. तशेंच जातिवेवस्था आनी अस्पृश्यताय सारकिल्लीं समाजीक वायट ष्प्रवृत्तींचे निर्मूलन रपा खातीर ताणी झूज केलें. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन, पंतप्रधान नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला, आनी हेर मानेस्त संसद भवन वाठरातल्या प्रेरणा स्थळार ज्योतिबा फुले हांका फूलांनी आर्गा ओपतले .ह्या निमतान देशांत जायत्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात.

फाटल्या कांय सप्तकां सावन अस्तंत आशियाई वाठारांत चालू आयिल्लो संघर्श सोंपवपाचो यत्न करपाखातीर  आयज इस्लामाबादांत अमेरिके आनी इराण हांचे मदीं थेट उलोवणी जावपाची आसा. अमेरिकेच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण उपराष्ट्रपती जे. डी. व्हान्स करतले.ताचे वांगडा राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचो खाशेलो दूत स्टीव विटकोफ आनी सल्लागार जेरेड कुशनर आसतलो. इराणाचें प्रतिनिधित्व अध्यक्ष मोहम्मद बागेर करतलो. ह्या चर्चेत इराणाचो अणुकेंद्रीय कार्यक्रम, बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्रां आनी होर्मुझ सामुद्रधुनीचेर भासाभास जाव्पाची शक्यताय आसा. होर्मुझ सामुद्रधुनीत शेंकड्यांनी तेल टँकर अडकून उरिल्ल्यात. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी दोन सप्तकां खातीर झुजबंदी जाहीर केल्या उपरांत ही उलोवणी जाता.

प्रस्तावीत युद्धविरामाच्या भायर इराणाक अमेरिके कडल्यान दुस्मानकाय कायमची सोंपपाखातीर हमी जाय. इराणाच्या 10 कलमी प्रस्तावांत होर्मुझ सामुद्रधुनीचेर नियंत्रण दवरप, प्रादेशिक तळांवेंल्यान अमेरिकेचीं सैन्याची माघार  युरेनियम संवर्धनाचो अधिकार आनी लेबाननांतल्या हिजबूल्लाचेर इझ्राएलान हल्ले थांबवप हान्चो आसपाव आसा.  हो प्रस्ताव आपल्याभूमिकेकडेन विसंगत आसा आनी इराणाच्यो मुखेल मागण्यो अमेरिकेच्या चौकटीभायर आसात अशें अमेरिकेन सांगलां. अमेरिकेन हाचे पयलीं दर्यावेल्या सुरक्षा संबंदीत 15 कलमी प्रस्ताव  तशेंच अणुकेंद्रीय आनी क्षेपणास्त्र मंजुरींचो प्रस्ताव प्रसारीत केल्लो.ते भायर फुडल्या सप्तकांत वॉशिंग्टनांत इझ्राएल आनी लेबनान हांचे मदीं उलोवणी सुरू जावपाची शक्यताय आसा.

अस्तंत आशियांत दोन सप्तकां खातीर झुजबंदी जाहीर जाली तरी लेबाननांत इझ्राएलाचे हल्ले चालू आशिल्ल्यान मरणां आयल्याचो आंकडो वाडत आसा हे खातीर लुकसाण भारतान खोलायेन हुस्को उक्तायला. नागरीकांची राखण करप हें पयलें प्राधान्य आसा असो भारतान आग्रह धरला. नवी दिल्लींत अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडणूका विशीं जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें की  ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरतायेखातीर भारताची बऱ्याच काळासावन आशिल्ली वचनबद्धताय पळयल्यार सध्याची परिस्थिती चड हुस्को करपा सारकी आसा. वेगवेगळ्या देशांच्या सार्वभौमत्व नी प्रादेशिक एकात्मतेचो आदर करपाच्या गरजेंचेर तांणी भर दिलो.

आशियाई डेव्हलपमेंट बँकेन चालू वित्तीय वर्सा भारताच्या अर्थीक वाडीचो अदमास 6.5 टक्क्यांवयल्यान 6.9 टक्के केला  एडीबीच्या 'एशियन डेव्हलपमेंट आउटलुक' अहवाला प्रमाण चालू वित्तीय वर्सा भारताची अर्थीक वाड घटमूट उरपाचो अदमास आसा; देशांतर्गत मागणीत वाड, वित्तपुरवणे संबंधित परिस्थिती सोंपी करप आनी भारतीय वस्तूंचेर अमेरिकेचे दर उणे करप हाकालागून ही वाड तिगोवन दवरपाक मदत जातली. मजगती

. भारताच्या परकी चलनाच्या साठ्यांत 3 एप्रीलाक सोंपपी सप्तकांत 9 अब्ज डॉलर परस चड वाड जावन तो 6पूज्य.97 ट्रिलियन डॉलर जाला. भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या म्हणण्या प्रमाण एप्रीलाच्या पयल्या सप्तकांत देशांतल्या परकी चलनाच्या साठ्यांत 9 अब्ज डॉलरा परस चड वाड जाल्या. भांगराच्या सांठ्यांत 7.21 अब्ज डॉलर इतली व्हड प्रमाणांत वाड जाल्ल्यान भांगराच्या सांठ्याचें वट्ट मोल 1.20 ट्रिलियन डॉलर जालां. तशेंच परकी चलनाची मालमत्ता 1.78 अब्ज डॉलर वाडून 5.52 ट्रिलियन डॉलर परस चड जाल्या.

नासाच्या आर्टेमिस दुसरो चंद्रमोहिमेतले चारय अंतरिक्षयात्री आयज धर्तरेचेर परतले. इंटिग्रेटी नांवाचें ओरियन अंतरिक्षयान स्वयंचलित नियंत्रणाखाला पॅसिफीक म्हासागरांत देंवलें.
10 दिसांच्या ह्या मोहिमेत हो पंगड 50 वर्सां परस चड काळांत चंद्राचेर प्रवासकरपी  पयलो मनीस पंगड जालो. तशेंच धर्तरेसावन सगळ्यांत पयस आशिल्ल्या अंतराचेर वाचपाचो तांणी नवो विक्रम केलो.

भारतीय अंतराळ संशोधन संघटनेन (इस्रो) आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटात गगनयन मोहिमेखातीर आपली दुसरी यशस्वी एकात्मिक एअरबर्स्ट चांचणी केली. मनशाच्या अंतरिक्ष उड्डाणा वेळार खलाशी मॉड्यूल म्हळ्यार अंतरिक्षयात्री कॅप्सूल सुरक्षीत परत येवपाची खात्री करपाखातीर ही पद्दत गरजेची आसा. पयली यशस्वी चांचणी 24 ऑगस्ट 2025 दिसा श्रीहरिकोटा हांगाच्या सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्रांत जाल्ली.
मजगती केंद्रीय मंत्री जितेंद्र सिंगान ह्या यशस्वी चांचणे खातीर इसरोक परबीं दिली. भारताचें पयलें मानवी अंतरिक्ष मोहीम श्रीहरिकोटा सावन 2027 वर्सा सुरू जातली.

लोकशाय मुल्यांक महत्व दीवन संसदेत,विधानसभा कामकाजात चर्चा ,भासाभास जावप महत्वाचे आसा.,नागरीकांचे प्रस्न सुटावे करपाखातीर सभाघराचे कामकाजाक चडानचड वेळ, चड कामकाजाची सत्रा जावप महत्वाचे आसा अशे गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी राश्टकुल संसदीय संघाच्या सातव्या क्षेत्राच्या समारोप सुवाळ्यावेळार उलयतना म्हणला.विरोधी पक्षातल्या सभासदांनी लोकांचे प्रस्न सुटावे करपाच्या नदरेतल्यान सभाघरात प्रस्न मांडपाक जाय अशे तांणी म्हळा.तशेंच innovation, dynamism, आनी inclusivness , नवे विचार,नवे तंत्रगिन्यानाक अपणावन बरे प्रशासन सरकारान जनतेक दीवपाक जाय अशे मत राज्यपालान व्यक्त केला.

भारताची तरणाटी पिळगी राष्ट्राक विकसित भारताच्या ध्येया कडेन व्हरतली अशें लोक सभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला. विद्यार्थ्यांनी लोकशायेंत सक्रीयपणान वांटो घेवचो असो उलो ताणी मारलो. वर्स 2047 मेरेन भारत विकसित करपाची जापसालदारकी आतां तरणाट्यांचेर आसा अशें तांणी म्हणला. गोंय विद्यापिठाच्या विद्याध्र्यांक मार्गदर्शन करताना ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.
BYTES 29 SEC

स्पोर्ट्स 50

काल राजस्थान रॉयल्स पांगडान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पांगडाक स विकेटींनी हारोवन आयपीएलां क्रिकेट सर्तीत  सलग चवथे खेपे जैत मेळयलें. आयज दनपारां 3:30 वरांचेर, पंजाब किंग्स आनी सनरायजर्स हैदराबाद पांगडामदी जाल्यार सांजे 7:30 वरांचेर चेन्नई सुपर किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स पांगडा मदीं खेळ जातलो.
काल किर्गिस्तानांतल्या बिश्केकात जाल्ल्या आशियाई कुस्ती सर्तींत भारताची मीनाक्षी गोयत हिणें बायलांच्या 53 किलो वजन गटात रुप्या पदक जिखलें.
हवामान
भारतीय हवामान खात्यान  आयज जम्मू-काश्मीर,  हिमाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, सिक्किम, रायलासीमा आनी उपहिमालयन अस्तंत बंगालात गडगड आनी वादळी वारयाचो अदमास उक्तायला. हांगा.तशेच  कोंकण, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलातर हवामान उश्ण आनी दमट उरपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

देश आयज व्हड समाज सुदारक महात्मा ज्योतिबा फुले हांकां ताच्या जयंती निमतन आर्गा ओपता.

फाटल्या कांय सप्तकां सावन अस्तंत आशियाई वाठारांत चलत आयिल्लो संघर्श सोंपपा खातीर आयज इस्लामाबादांत अमेरिके आनी इराण हांचे मदीं थेट उलोवणी जातली.

आशियाई डेव्हलपमेंट बँकेन चालू वित्तीय वर्सा भारताच्या अर्थीक वाडीचो अदमास 6.5 टक्क्यांवयल्यान 6.9 टक्के केला.

नासाच्या आर्टेमिस दुसरो चंद्रमोहिमेतले चारय अंतरिक्षयात्री आयज धर्तरेचेर परतले.
भारतीय अंतराळ संशोधन संघटनेन (इस्रो) आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटात गगनयन मोहिमेखातीर आपली दुसरी यशस्वी एकात्मिक एअरबर्स्ट चांचणी केली
आयपीएलां क्रिकेट सर्तीत काल राजस्थान रॉयल्स पांगडान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पांगडाक स विकेटींनी हारोवन सलग चवथे खेपे जैत मेळयलें.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले खब्रापत्र तुमका आयकुक मेळटले सांजे साडेस वरांचेर नमस्कार